आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरो

Date :16 /03/2025

7.20 pm

मुखेल खबरो -------

1 प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्लींत न्यूझीलंडाचे समकक्ष क्रिस्टोफर लक्सन हांचे वांगडा रायसीना संवाद 2025 चें उक्तावण करतले.

2 राज्यातल्या भलायकी क्षेत्रात मुळावी बंदावळ सुदारपाखतीर सरकार वावूरता अशें भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हळा .

3 मडगाव शारांत शिगम्याची मिरवणूक व्हड उमेदीन मनयली

4 कॅन्सर, गोडेंमूत आनी हेर गंभीर दुयेंसाचेर संशोधनाखातीर म्हायती एकठांय करूंक कर्मचाऱ्यांची रोखडीच नेमणूक करतले अशी म्हायती गोंय कॅन्सर संस्थेचे वांगडी डॉ. शेखर साळकार हांणी दिली.

----------

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्लींत न्यूझीलंडाचे समकक्ष क्रिस्टोफर लक्सन हांचे वांगडा रायसीना संवाद 2025 चें उक्तावण करतले. फाल्यां सावन 19 मार्च मेरेन रायसीना संवादाची धावी आवृत्ती चलतली.

रायसीना संवाद ही जागतीक समाजा मुखार आशिल्ल्या प्रस्नांचेर उपाय काडपी भारताची भू-राजनीती आनी भू-अर्थशास्त्रा विशींची ही मुखेल परिशद. दर वर्सा राजकारण, वेवसाय, माध्यमां आनी नागरी समाजांतले फुडारी नवी दिल्लींत एकठांय येवन जगाचे स्थितीविशीं भासाभास करतात आनी समकालीन विशयांतल्या विस्तृत गजालींचेर सहकार्याच्यो संदी

सोदून काडटात. परराश्ट्र मंत्रालयाच्या भागीदारींत ऑब्जर्व्हर रिसर्च फावंडेशन हे परिशदेची येजमानकी करतले.

राज्यातल्या भलायकी क्षेत्रात मुळावी बंदावळ सुदारपाखतीर सरकार वावूरता तशेच पयसुल्ल्या वाठारांनी पावपा खातीर हेलिकॉप्टर एम्ब्युलन्स सेवा सुरू करपाचो हेत आसा अशें भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हळा . दिवचलच्या कम्युनिटी हेल्थ सेंटरांत भलायकी सेवा संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या वैजकी शिबिरात ताणी ही घोशणा केल्या. ह्यावेळार थळावे आमदार डॉ. चंद्रकांत शेटये आनी हेर मानेस्त हाजिर आशिले . ह्या शिबिरांत व्हड प्रमाणांत लोकांनी वांटो घेतिल्लो.

राज्याच्या सगळ्या कोनशानी बरी वैजकीय सेवा पावोवपाखतिर हे एक म्हत्वाचे पावल आसा अशे मंत्री राणे हाणी सागले .

डगाव शारांत आज शिगम्याची मिरवणूक उमेदीन मनयली. मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हाणी दिवली पेटोवन ह्या महोत्सवाक सुरवात जाली.पुराणिक कथांचेर आधारित तयार वेगवेगळ्या चित्ररथांक लागून हे मिरवणूकेक वेगळीच रंगत आयल्या. ही मिरवणूक सध्या चालू आसा. हजारांनी लोक ही मिरवणूक पळोवंक गर्दी केल्या.

हे मिरवणकीत चित्ररथ आणि रोमटामेळ हांचोय ह्या मिरवणुकीत आसपाव आसलो. ते आदी ल्हान भुग्र्यांची वेशभूशा सर्त जाली.

कॅन्सर, गोडेंमुताचें, हाय ब्लडप्रेशर तशेंच हेर गंभीर दुयेंसाच्या (एनसीडी) संशोधना खातीर रगताचे नमुने घेवपा वांगडा वजन तशेंच हेर गजालींची म्हायती घेवपा खातीर खास कर्मचाऱ्यांची नियुक्ती करतले. गोंय कॅन्सर संस्थेचे वांगडी डॉ. शेखर साळकार हांणी ही म्हायती दिली. ही नेमणूक कंत्राटी वा दिसपट्ट्या तत्वाचेर जावपाची शक्यताय आसा.

कॅन्सर, गोडेंमूत, हाय ब्लड प्रेशर तशेंच हेर गंभीर दुयेंसांचें प्रमाण आनी कारणां सोदपा खातीर लॉजीट्युडनल कोहोर्ट स्टडी उपक्रमाचें फाटल्या सप्तकांत उक्तावण जालें. भलायकी संचालनालय टाटा मेमोरीयल हॉस्पिटल (मुंबय) आनी ऑक्सफर्ड विद्यापीठ हांच्या सहकार्यान हें संशोधन करतले. १ लाख लोकांच्या रक्ताचे नमुने आनी हेर म्हायती घेवन ताचेर संशोधन करतले. ह्या संशोधनाच्या आदारार निश्कर्श जाहीर करतले. १ लाख लोकांची तपासणी आनी

म्हायती घेवपाक एका वर्सा परस चड काळ लागतलो. उपरांत टाटा मेमोरीयल हॉस्पिटलाचे तज्ज्ञ ऑक्सफर्ड विद्यापीठाचे मजतीन संशोधन करतले. हाका आनीक वेळ लागतलो. संशोधनाचो निश्कर्श येवपाक सुमार ३ वर्सांचो काळ लागतलो, अशी म्हायती डॉ. साळकार हांणी दिली.

सांखळे, वाळपय, काणकोण आनी किनारपट्टी वाठारांतल्या नागरिकांची तपासणी पयल्या टप्प्यांत करतले. हाचे खातीर भलायकी खात्या वतीन खास कर्मचाऱ्यांची नेमणूक करतले. उपक्रमा खातीर भलायकी खात्याक वर्साक ३ कोटी रूपया खर्च येवपाचो अदमास आसा. ते प्रमाण अर्थसंकल्पांत तरतूद करपाची मागणी मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे कडेन केली.

दिवचल ,मये, साखळी मतदार संघातल्या वेगवेगळ्या वाठरानी पारंपारिक शिग्मोत्सव उमेदीन सुरू जाला. शिमगोत्सवाच्या निमतान साखळे, मये ,मुळगाव, वजरे, विर्डी, कुडणे, कारापूर, विठ्ठलापूर ,पिळगाव, नार्वे हरवळे आनि हेर गावानी पारंपारिक शिगम्याक सुरवात जाल्या. हातूंत पारंपारिक होळी उभारप ,रोमटामेळ पथकां घेवन घराघरांत वचप, धुलवड हांचो आस्पाव आसा. साखळी मतदारसंघात कुडणे ,दिवचल मतदार संघात साळ ,दिवचल तशेंच मयें मतदार संघात पिळगांव हांगा वर्सुकी पद्धतीप्रमाण पारंपारिक गडे उत्सव उमेदिन मनोवपात आयलो .हे वेळार व्हडा प्रमाणांत लोक उपस्थित आसले. साखळी मतदारसंघात गावठण साखळी हांगा पारंपारिक चोरोत्सव व्हडा नेटान जालो. शिमग्या उपरांत देवीची तरंगा आनि होमखण हे विधी शिमगोत्सवा अंतर्गत जातले. दिवचल , साखळी ,विर्डी, बंदिरवाडा हांगासर होमखण कार्यावळ पारंपारिक पद्धतीन मनयतले .

रोटरेक्ट क्लब दिवचल, दिवचल रोटरी क्लब आनि गोंय वैद्यकीय महाविद्यालयाची ब्लड बँक हांच्या जोड पालवान आयज 16 मार्चक सकाळी साडेनऊ वरांसावन रक्तदान शिबिराचें आयोजन केलें .दिवचल नगरपालिका इमारतीत जाल्या रक्तदान शिबिरांत व्हडा संखेन रक्तदात्यांनी सहभागी जावन रक्तदान केलें.

शिकून कितलेय व्हड जाले तरी आपली शाळा आनी गांव विसरू नाकात अशे डॉ. अनिल देसाय हांणी सांगले. केरी फोंडेच्या सुरश्री केसरबाई केरकर शाळेच्या आरविल्ल्या संगणक प्रयोगशाळेचे उक्तावण करतकच ते आयज उलयताले. केरी गाव म्हजो जल्म गांव. कामा निमतान जरी हांव देशाभायर रावता तरी हांवे गांवाची नाळ तोडूंक ना अशे तांणी सांगलें. म्हजी शाळा , म्हजो गांव ह्याच भावनेतल्यान ही संगणक प्रयोग शाळा उबारल्या अशे डॉ. देसाय हांणी सांगलें. सैंट्रो एदुकादोर संस्थेचे अध्यक्ष संजय प्रियोळकर , व्यवस्थापक जगन्नाथ केरकर आनी मुख्याध्यापिका उषा नाईक हांची लेगीत उलोवपां जालीं.

अमृत 2.0 मोहिमे खाला दिवचल नगरपालिकेन गोंय राज्य शार उदरगत म्हामंडळाच्या सहकार्यान दिवचलच्या रोटरी क्लब मुळाव्या शाळे लागसार एक उद्यान विकसित केला. ह्या प्रकल्पाचें उक्तावण भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी थळावो आमदार डॉ. चंद्रकांत शेट्ये हांच्या हाजिरेंत जाले . अमृत 2.0 मोहिमेखाला शारी मुळावी बांदावळ सुदारपा हेतान उद्यानां आनी हरित सुवातो तयार करपाचो हेत आसा. जिणेचो दर्जो वाडोवपी आनी शाश्वत शारी उदरगतीक चालना दिवपी मुळाव्यो नागरी साधन सुविधा तयार करप हे ह्या मोहीमचे ध्येय आसा अशें भलायकीमंत्री विश्वजित राणे हांणी सांगलें .दिवचल म्हालातल्या मुळाव्या साधनसुविधा उदरगतीचेर मंत्री राणे हांणी भर दिलो.

देशभरांत आयज राष्ट्रीय लसीकरण दीस मनयतात. इम्युनायझेशनाची जाणीव करून दिवपाखातीर दर वर्सा 16 मार्चाक हो दीस मनयतात. दरेका भुरग्याची जतनाय घेवपाची मोख गाठपाखातीर लसीकरण म्हत्वाचें आसा अशें भलायकी मंत्रालयान सोशल मिडियाचेर केल्ल्या एका पोस्टांत म्हळां. मंत्रालय, राज्य सरकार आनी फ्रंटलायन भलायकी कर्मचाऱ्यां वांगडा भुरग्यांची रोगप्रतिकार शक्त वाडोवपाक कटिबद्ध आसा अशें तातूंत म्हळां.

वर्स 2014 त लसीकरण वाडोवपा खातीर मिशन इंद्रधनुष सुरू केल्लें. भुरग्यांच्या मरणाचो आंकडो उणो करपाखातीर आनी लसीकरणाची प्रक्रिया नेटान चालीक लावपाखातीर हो उपक्रम सुरू केल्लो. 2 वर्सां सकयल्या भुरग्यांक आनी गुरवार बायलांक उपलब्ध आशिल्ल्यो सगळ्यो लसी दिवन तांची रोगप्रतिकारशक्ती वाडोवप हो मिशन इंद्रधनुषाचो हेत आसा अशें भलायकी मंत्रालयान म्हळां

साहित्य मंथन- सत्तरी आनी सांतेरी केळबाय देवस्थान समिती वतीन रावण सत्तरी वाठारांत 29 आनी 30 मार्चाक चवथ्या ग्रामीण साहित्य संमेलनाचे आयोजन केलां श्री सांतेरी केळबाय देवस्थान सभाघरांत आयोजीत केल्ल्या दोन दिसांच्या संमेलनांत तरेकवार चर्चासत्रांचो आसपाव आसा/राज्यभरांतले साहित्यीक /कलाकार हातूंत वांटो घेतले/ शेनवारा 29 मार्चाक/ साडेतीन वरांचेर पर्य मतदारसंघाची आमदार डॉ. दिव्या राणे हांचे हस्तुकी संमेलनाचें उक्तावण जातलें, ह्या वेळार अध्यक्ष म्हूण/ज्ञानपीठ पुरस्कार जैतवंत लेखक दामोदर मावजो, मुखेल सोयरे म्हूण केंद्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कार जैतवंत लेखक डॉ. प्रवीण बांदेकार, संमेलनाध्यक्ष म्हण/लोकवेद संशोधक कमलाकर म्हाळशी/केरी जिल्हो पंचायत वांगडी देवयानी गांवस, केरी सरंपच सुप्रिया गांवस, रावणची पंच वांगडी नंदिता गांवस, देवस्थानचे अध्यक्ष तशेंच संमेलनाचे येवकारअध्यक्ष सत्यवान गांवस,साहित्य मंथन सत्तरीचे अध्यक्ष काशिनाथ नायक, कार्याध्यक्ष गणेश शेटकर हाजिर रावतले . ह्या संमेलनात सर्गेस्त लक्ष्मी विष्णू गांवस, हांच्या उगडासाक लोकवेद अभ्यासक गोपीनाथ गांवस हांणी पुरस्कृत केलो पयलो ग्रामभुशण पुरस्कार भेटयतले तशेच ग्रामीण जीवन / लोकसंस्कृतायचे चित्रण आशिल्ले खास यादस्तिकेचें विमोचन जातलें,

नमस्कार